## शांतता आनी सलोख्या खातीर गोंयची सगळी कडेन वळख

**----- आयुश मंत्री**

**पणजीः २७ ऑगस्ट, २०१८**

आयुश मंत्री( स्वतंत्र प्रभार) श्री. श्रीपाद नायक हांणी शेनवारा गोंय केसरी अनु प्रकाशनान आयोजीत केल्ले कोंकणी-कन्नड बांधव समावेश आनी सांस्कृतीक कार्यावळ २०१८, चें उक्तावण केलें.

त्या वेळार उलयतना श्री. श्रीपाद नायक हांणी सांगले, कन्नड समाज जो आयज कितलीशीच वर्सां गोंय राज्यांत रावता तांणी राज्याच्या समाजीक-अर्थीक उदरगतींत आपलें योगदान दिलां. शांती आनी सलोख्या खातीर गोयची वळख आसा. शांतीकाय आनी सलोख्याची ही खाशेली परंपरा राखून दवरुन आमी प्रत्येकान एकवटीतपणान राज्याच्या प्रगती खातीर काम करप आमचें कर्तव्य आसा.

कार्यावळीचे मानादीक सोयरे, गोंय विधानसभेचे माजी सचीव, श्री. टि.एन. धृवकुमार, कार्यावळींत उलयतना सांगलें, गोंयचे राजकारण्यांच्या योग्य दृश्टीक लागून गोंयची जलद गतीन उदरगत जायत आसा. विधिमंडळाचे नेमांक पाळो दिवपाची तांची वागणूक आनी निश्ठेक लागून गोंय देशांतल्या बाकिच्या राज्यां खातीर एक आदर्श राज्य थारता.

श्री. गुरुदास पै, श्री. व्यंकटेश भट, श्री. अरुण कुमार, श्री. सुरेंद्र शेटये, श्री. अनंत प्रभु हांकां तांणीं समाजीक –अर्थीक क्षेत्रांत भरीव योगदान दिल्ले बद्दल आयुश मंत्री श्री. श्रीपाद नायक हांच्या हस्तुकीं सत्कार केलो जाल्यार गोंयची भारतीय सैन्यात भरती जाल्ली पयली बायल लेफ्ट. कर्नल. कुमुदिनी पै हांचोय हे वेळार सत्कार केलो.

अखिल गोंय कन्नड समाजाचे अध्यक्ष, श्री. हनुमंतप्पा रेड्डी, मिडिया मुखेली 'सुवर्ण' श्री. आनंद बैदनेमाने, अध्यक्ष गोंय कन्नड समाज, श्री. मल्लिकार्जुन बदामी, आनी हेर कार्यावळीक हाजीर आशिल्ले.

श्री. श्रीनिवास पै, गोवा केसरीचे संपादक हांणी सोयऱ्यांक येवकार दिलो.

श्री. महाबल भट हांणी कार्यावळीचें सुत्रसंचालन आनी उपकाराचें उलोवप केलें.

मा/वाप/टीएसएस/रना/अगा/२०१८/१४६९